राश्ट्रीय खबरो, 21 जून 2026, 6.30 वरां

**योग दीस**

निरोगी पिराये खातीर योग संकल्पनेचेर आयज भारत देशा वांगडाच संवसारभर योगाचो बारावो आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयलो. निरोगी, सक्रिय आनी प्रतिश्ठेन जाण्टेपण येवपा खातीर आजीवन पद्दत म्हणून योग आपणावपाचें म्हत्व ह्या संकल्पनेंत मांडल्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज कलकत्त्यांतल्या रॅड रोडाचेर योग अभ्यास केलो. हजारांनी लोकांनीं तांचे वांगडा योगाची प्रात्यतक्षिकां केलीं. योग प्रोटोकॉल सत्रांत वांटो घेवन प्रधानमंत्री मोदी हांणी ह्या प्रतिकात्मक सुवातेर हजारांनी योग वेवसायिकां वांगडा योग केलो. प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, 21 जून हो दीस धर्तरेच्या कांय वाठारांनी सगळ्यांत लांब दीस; योगाक लागून आतां हो सगळ्यांत व्हडलो समाजीक उत्सवाचो दीस जाला योग हो फकत शारिरीक व्यायाम न्हय तशेंच तो खंयच्याय पिरायेच्या गटाक मर्यादीत ना तो मनशाच्या आत्म्याची अभिव्यक्ती आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्र्यांनीं सांगलें. विस वर्सांच्या पिरायेच्या तुळेन चाळीशींत आमची कुड अदीक लवचीक आसपाक जाय आना तिशीच्या पिरायेच्या तुळेन पन्नाशेंत आमी अदीक उत्साही आसपाक जाय.

सरकारन शंभर दिसांच्या ऑनलायन योग वर्गांच्या माध्यमातल्यान ह्या वर्सा ‘योग तिनशें पासस्ट (Yoga ही घोषणा अदीक लोकप्रिय जाल्ल्याचें प्रधानमंत्र्यांनीं सांगलें.

**पीएम नौदळ**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज कलकत्त्यांत स्वदेशांत निर्मिती केल्लीं नौदळा खातीरचीं INS दुनागिरी, INS संशोधक आनी INS अग्रय हीं  तीन जहाजां राष्ट्राक समर्पित केलीं.  जहाज बांदपाच्या मळार भारत नवी नदर घेवन मुखार वता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी ह्या वेळार म्हळें.

केंद्र सरकारान फाटल्या वर्सांनी जायत्या धोरणांनीं सुदारणा केल्यात आनी देशी उत्पादन क्षमता वाडोवपा खातीर खाशेलीं पावलां उबारल्यांत अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. जहाजांची देखरेख, दुरुस्ती आनी संचालन हें एक मुखेल राष्ट्रीय मिशन म्हणून आमी पळयतात अशें तांणी सांगलें.

ह्या झुजारी जहाजांक नौदळांत हाडिल्ल्यान भारताच्या फुडाराचो संकेत मेळटा अशें प्रधाममंत्री मोदी हांणी सांगलें. विकसीत भारता खातीर दर्यादेग मळ  रोजगाराचो मुखेल स्त्रोत जावंक शकता आनी फुडल्या वर्सांनी लाखांनी नव्यो नोकऱ्यो निर्माण जावपाची अपेक्षा आसा अशें तांणी सांगलें. संरक्षण उत्पादन आनी संरक्षण निर्यात हातूंत भरपूर वाड जाल्या अशें प्रधानमंत्र्यांनीं नदरेक हाडलें.

नौदळाच्या म्हणण्या प्रमाण ह्या तीन जहाजां खातीर ७५ टक्क्यां परस चड देशी पदार्थ वापरल्यात आनी दोनश्यां परस चड सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांनी तांच्या बांदकामांत योगदान दिलां.

## मुर्मू

राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज राणी दुर्गावती विद्यापीठांत छत्तीसाव्या दिक्षांत सुवाळ्यांत वांटेकार जाल्ल्यो.  तांच्यीनी ह्या वेळार गुणेस्त विद्यार्थ्यांक भांगरा पदकां भेटयलीं. राणी दुर्गावती ह्यो धैर्य आनी पराक्रमाचें प्रतिक आशिल्ली आनी फुडल्या पिळग्यांक तीची देख घेवपा सारखी आसा अशें ह्या वेळार उलयतनां राष्ट्रपती मुर्मु हांणीं सांगलें. आदिवासी समाज, वंचित वर्ग, आनी चलयांक सशक्त करपा खातीर शिक्षणाचें म्हत्वाचेर राष्ट्रपती मुर्मुं हांणी भर दिलो.

जेन्ना उदरगतीचो फायदो समाजांतल्या दरेका वर्गाक पावतलो तेन्नाच दोन हजार सत्तेचाळीस, मेरेन विकसीत भारताचें ध्येय साध्य जातलें अशें तांणीं सांगलें.

मध्यप्रदेशांतल्या जबलपुरांत जाल्ल्या योग दिसाचे कार्यावळींत राष्ट्रपती वांटेकार जालीं.

फाल्यां राश्ट्रपती मुर्मु कल कुनो ऱाश्ट्रीय उद्यानाक भेट दितल्यो. तशेंच उद्यानाची जतनाय घेवपी कर्मच्यार्‍यांकडेन वार्तालाप करतली.

**नीट**

पदवी वैजकी अभ्यासक्रमांत प्रवेश मेळोवपा 2026 वर्साची नीट-यूजी परिक्षा परतून आयज कडक सुरक्षा वेवस्थे मजगतीं जाली. भारतांतल्या पांचशें एकावन्न शारांनी आनी विदेशांतल्या 14 शारांनी  22 पुज्य एकोण अंयशीं लाखां परस चड उमेदवारांनीं ही परिक्षा दिली. ही परिक्षा दनपारां 2 ते सांजेच्या सवा पांच वरां मेरेन  मेरेन इंग्लीश आनी 12 भारतीय भाशांनी जाली.

**ईडी**

अंमलबजावणी संचालनालयान मनी लॉन्डरिंग प्रतिबंधक कायदो , २००२ अंतर्गत गोंयच्या उद्देग समुहा कडेन संबंदीत गोंयच्या बेकायदेशीर लोहखनिज खाण प्रकरणांत सुमार 1 हजार 23 कोटी रुपयांची मालमत्ता जप्त केल्या. गोवा सीआयडी क्रायम ब्रँचान दाखल केल्ल्या एफ.आय.आरा.च्या आदारार इडीन तपास सुरू केल्लो.